Panaji

National News

14-09-26 6:30pm

ऊर्जा सुरक्षा ही सामाजिक आर्थिक विकास, राष्ट्रीय सुरक्षा आनी सगल्या राष्ट्रांच्या कल्याणा खातीर एक म्हत्वाची बुन्याद आसा अशें ब्रिक्स फुडाऱ्यांनी म्हळां. दोन दिसांची ब्रिक्स परीशद नवी दिल्लीत सोपली.

सदस्य राष्ट्रांनी ऊर्जा सुरक्षा घटमूट करपाचे गरजेचेर उजवाड घालो. हे खातीर ऊर्जा बाजारांतली स्थिरता पक्की करप, विविध स्रोतां कडल्यान ऊर्जेची अखंड पुरवण राखप आनी महत्त्वाच्या ऊर्जा बुनयादी सुविधांची राखण करप या गजालींचेर भर दिला. या परिषदे मजगतीं, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी शिटकावणी दिल्या की, तंत्रज्ञान आणि खनिजांचो शस्त्रासारको वापर उदरगतींत आडखळ थरूंक शकता.

पश्चिम आशियातल्या परिस्थिती विशीं, ब्रिक्स फुडाऱ्यांनी संयम बाळगुपाचें आवाहन केलें.

फुडाऱ्यांनी आतंकवादाचो ताच्या सगल्या स्वरूपांत खर निषेध केलो. संसर्गजन्य रोगांचा प्रतिबंध आनी ताचेवेल्या उपाययोजनां खातीर 'ब्रिक्स एकात्मिक पूर्व-सूचोवणी प्रणाली' स्थापन करपा विशीं एकमत जालें.

<u>आयज हिंदी दिसा निमतान कार्यावळी जातात.</u>

१९४९ वर्सा याच दिसा संविधान सभेन देवनागरी लिपींतले हिंदी भाषेक देशाची अधिकृत भाषा राजभाषा म्हणून मानून घेतिल्ली. आज हिंदी ही जगात सगल्यांत अदीक उलयतात त्या भाशापैकी एक असून ५२ कोटीं परस अधिक लोकांची ती आवयभास आसा.

केंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री अमित शाह हाणी आयज नवी मुंबई हांगा आयोजित सव्या 'अखिल भारतीय राजभाषा संमेलना'त 'राजभाषा गौरव' आनी 'राजभाषा कीर्ती' पुरस्कार प्रदान केले. घर मंत्रालयाच्या अंतर्गत आशिल्ल्या 'राजभाषा विभागा'वरवी महाराष्ट्रातल्या नवी मुंबई हांगा दोन दिसांचें अखिल भारतीय राजभाषा संमेलन आयोजीत केलां. हिंदी भाषा आणि महाराष्ट्राची

गिरेस्त भाषिक, सांस्कृतिक व साहित्यिक परंपरा हांच्यातले परस्पर संबंध अधोरेखित करप हो संमेलनाचा उद्देश आहे.

भारतीय हवामान विभागान गुजरातात आज घोग्यांनी पावस पडपाची शिटकावणी दिल्या. तशेच,  फाल्यां मेरेन हरियाणा, चंदीगड, पंजाब, उदेंत राजस्थान, ओडिशा आनी बिहारातूय दडकांनी पावस पडपाचो अदमास आसा. मुखावेल्या दोन दिसांत अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयात अशीच हवामान स्थिती उरपाचो अदमास आसा.

हवामान विभागान सांगलां तेप्रमाण, फाल्यां मेरेन उत्तराखंड, आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, तामिळनाडू, पुद्दुचेरी, कराईकल, केरळ आनी माहे हांगासर  गडगड आनी विजो हांचे सैत पावस पडपाचो अदमास आसा.

यूएस ओपन टेनिस स्पर्धेत, जर्मनीच्या अलेक्झांडर झ्वेरेव्ह हाणे अमेरिकेच्या बेन शेल्टनाक हरोवन दादल्यां एकोड्या गटांतलें वस्तादपण मेळयलें.

गोंयांत आयज सकाळीं विघ्नहर्त्या गणरायाचें विधिवत आगमन जाल्ल्यान जळामळा चवथीचें उमेदीचें वातावरण तयार जाल्लें दिसता. चवथ हो गोंयचो समाजीक आनी भावनीक एकचार सादपी सगल्यांत व्हडलो सण आशिल्ल्यान गोंया भायर नोकरी धंदो वेवसाया निमतान आशिल्ले गोंयकार आपल्या गांवघरा जोडकुटुंबांत आयल्यात. देड दिसाचें पूजन आनंदान चालू आसा.

गणपतीमुखार जी माटोळी आसा तातूंत पारंपारीक वनस्पत, फळां, नेवऱ्यो, मोदक आनी हेर नग लायिल्ले दिसतात. माटोळी ही संपन्न समृध्द  वनस्पत विविधतायेचें प्रतीक.

गोयांत चडशा घरांनी देड दिस गणपती आसता. कांय घरांनी 5 दीस लेगीत पूजन जाता. हालींसराक गोयात सार्वजनिक गणपती उत्सव वाडल्यात. तातूंत तरेकवार कार्यावळी सर्ती किर्तना व्याख्यानां हांचो आसपाव जाता. ह्या कार्यावळींतल्यान प्रबोधन करपाचेर भर आसता. तरणाटे भुरगे घुमट आरतींनी वांटेकार जातात ही बरी गजाल थरल्या.

शारांतल्यान लोक गांवघरा वतात देखून शारांत पुलीसांनी बंदोबस्त वाडैला आनी रातीची गस्त पाळत कडक केल्या. चवथी निमतान घरचे सगळे सोयरे येवन भक्तीभावान आरती करतात तेन्ना

भावपण प्रेम हांचे बंध घटमूट जातात. हे खेपे चवथीच्या सामानाचे बाजार वाडिल्ल्यान लोकांक सगलें सामान एकेच सुवातेर घेवप बऱ्याक पडलें.